# डॉ. फ्रांसिस्को लुईस गोम्स गोंयच्या इतिहासातले असामान्य व्यक्तिमत्व- आलेक्स सिक्वेरा

ता. 30 सप्टेंबर 2024

डॉ. फ्रांसिस्को लुईस गोम्स हे गोंयच्या आनी भारताच्या इतिहासातले असामान्य व्यक्तिमत्व आशिल्लें, अशें पर्यावरण मंत्री श्री. आलेक्स सिक्वेरा हांणी आयज नावेली हांगा दक्षीण गोंय जिल्हाधिकारी कार्यालयान आयोजीत डॉ.फ्रांसिस्को लुईस गोम्स पुण्यतिथ कार्यक्रमात उलयतना सांगलें.

नावेली गांवचे सुपुत्र सर्गेस्त डॉ.फ्रांसिस्को लुईस गोम्स हांणी समानताय, स्वातंत्र्य, सत्य आनी न्याय तत्वांचो प्रचार केलो. डॉ. गोम्स हांणी पोर्तुगिज संसदेत राष्ट्रीय स्वातंत्र्य संकल्पनेचेर आवाज काडलो. ताणी पोर्तुगिज संसदेत गोंयकारांच्या हिताखातीर आनी असमानताय आनी सामाजीक अन्यायाआड झगडले, अशें सिक्वेरा हांणी सांगलें.

श्री. kसिक्वेरा हांणी विद्यार्थी वर्गाक स्वातंत्र्य आनी सामाजीक समानतायेच्या तत्वांचो प्रचार आनी प्रसार करपाचो उलो मारलो. तशेंच तांणी आयच्या तरणाट्यांनी समानताय, शांतीकाय आनी न्याय तत्वांचेर समाजाची उबारणी करपा खातीर काम करपाची मागणी केली.

डॉ. फ्रांसिस्को लुईस गोम्स मेमोरियल ट्रस्टाचे अध्यक्ष श्री. लुईझीन फालेरो हांणी आपल्या भाशणात डॉ. गोम्स हांणी परकीय राजवटीत गोंयच्या सामाजीक, शिक्षणीक आनी सांस्कृतीक विकासा खातीर व्हड योगदान दिल्ल्याचें सांगलें. स्वातंत्र्याच्या संकल्पनेचेर पोर्तुगिज संसदेत आवाज काडपी ते पयले व्यक्ती आशिल्लें, अशें तांणी सांगलें.

श्री. फालेरो हांणी डॉ. गोम्स हांच्या कार्याची म्हायती दितना विद्यार्थ्यांनी तांचो आदर्श घेवन जीणेत यसस्वी जावपाचो उलो मारलो. तशेंच तांणी डॉ. गोम्स हांची जयंती आनी पुण्यतिथ सरकारी कार्यक्रम म्हूण जाहीर केल्ले खातीर मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांची तोखणाय केली.

रेव्ह. फा. गाब्रियल कुतिन्हो हांचेय ह्या वेळार भाशण जालें.

सुरवातीक श्री. आलेक्स सिक्वेरा आनी हेर मानेस्तांनी डॉ. फ्रांसिस्को लुईस गोम्स हांच्या पुतळ्याक फुलाहार घालून तांच्या उगडासाक आर्गां ओपली.

नावेलीचे आमदार श्री. उल्हास तुयेंकर, जिल्हा पंचायत वांगडी श्री. एडविन कार्दोज, नावेलीच्यो सरपंच श्रीमती लुसिया कार्व्हालो, तळावलीच्यो सरपंच श्रीमती फ्रेनी बार्रेटो, दक्षीण गोंय जिल्हाधिकारी श्री. अश्विन चंद्रु, पुलीस अधिक्षक श्रीमती सुनिता सावंत, अखिल गोंय स्वातंत्र्य सैनिक संघटनेचे अध्यक्ष श्री. रोहिदास देसाय, 18 जून क्रांती समितीचे अध्यक्ष श्री. अविनाश शिरोडकर आनी हेर मानेस्त कार्यक्रमाक हजर आशिल्लें.

म्हा/सप/ / विगां/ 2024/ 532

--

-------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa, Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan, Panaji – Goa.